# मुख्यमंत्र्यान 'पत्रकार कृतज्ञता निधी' येवजणेखाला मंजूरीपत्र भेटयले

ता. 3 ऑगस्ट 2026

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याच्या 'पत्रकार कृतज्ञता निधी' येवजणे खाला ज्येश्ठ पत्रकार श्री प्रसाद शेट काणकोणकर हांका मंजुरी पत्र सुपूर्द केले.

उटंगाराच्या पावसाक लागून प्रसाद शेट काणकोणकर हांच्या घराचे व्हड प्रमाणात लुकसाण जाला. तांच्या घराच्या दुरुस्ती खातीर येवजणे खाला तांका 2 लाख रुपयांची आर्थिक मजत मंजूर केल्या.

पत्रकार कृतज्ञता निधी येवजणे खाला एका पत्रकार लावधारकाक घराच्या दुरुस्ती खातीर आर्थिक मजत मंजूर करपात आयिल्ल्याचे हे पयलेच प्रकरण आसा आनी अडचणींक तोंड दिवपी पत्रकारांक वेळार मजत करपाच्या सरकारच्या वचनबद्धतेचे उदाहरण आसा. म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यावतीन अडचणीत आशिल्ल्या गरजू पत्रकारांक ताकतीकेन आर्थिक मजत करपा खातीर 'पत्रकार कृतज्ञता निधी' येवजण राबोवपात येता.

म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याचे संचालक श्री अभिर सी. हेदे आनी माहिती अधिकारी श्री किरण मुनंकर ह्या वेलार उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/517

--
-------------------------------------------------------------------------------------------
Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.